23 March 2025 सकाळी – 7.25

आकाशवाणी पणजी

केंद्रांच्या प्रादेशिक खबरा

Goa Shipyard

भारत पुराय तरेन आत्मनिर्भर जावपा खातीर यशस्वी रित्या मुखार वचत आसा. फुडाराक ५० हजार कोटी रुपया आयात करपाची मोख दवरून आसा, म्हायती केंद्रिय रक्षा राज्यमंत्री संजय सेठ हाणें दिल्या.

गोवा शिपयार्डान, भारतीय नौदला खातीर बांदिल्ल्या दुसऱ्या झुजा मळावयल्या, बोटीच्या उक्तवण सुवाळ्या वेळार ते उलयताले. रक्षाराज्य मंत्री सेठ हांची घरकान्न नीता सेठ हांचे हस्तुकी 'तवस्य' ह्या झुज बोटीचे आयज जलावतरण जाले. ह्या वेळार उलयताना केंद्रीय मंत्री हाणें म्हळा, की प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीन सुरू केल्ल्या आत्मनिर्भर संकल्पनेक पुराय देशभर बरो तेको मेळटा. गोवा शिपयार्डान फकत आठ म्हयन्यां भितर ही बोट बांदुन तयार करताना, देशातल्या उत्पादनाचो वापर करून आत्मनिर्भरतायेचें उदाहरण तयार केला. गोवा शिपयार्डन फुडल्या पाच वर्सा भितर ६० नवे प्रकल्प येतले, जातुंन ६५ टक्के गुंतवणूक ही स्वदेशी आसतली म्हणजेच सात हजार कोटी रुपया देशा भितरच उरतले.

-----------------------------------

रश्मि

घुमचे कटर घुम... ओस्स्य ओस्स्य, वांगडा भारत का बच्चा बच्चा जय श्री राम बोलेगा ह्या जायघोशात, पणजे शिगमोत्सव समिती वतीन आयोजित पणजेत, 37वि शिगम्याच्या मिरवणुक जाली.

शिगमोत्सव मिरवणुकीचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी, परंपरागत आनी विधीवत श्रीफळाची पुजा करुन उक्तावण केले. ह्यावेळार पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे, भाजप प्रदेशध्यक्ष दामोदर नायक, पणजी म्हापालिकेचे म्हापौर रोहित मोन्सेरात तशच पणजी शिगमोत्सव समितीचे वांगडी हाजीर आशिल्ले.

इतिहासिक, पैराणिक, सैम सामाळात असो संदेश दिवपी चित्ररथांनी, ह्या मिरवणुकीत वाटो घएतिल्लो. हे शिवाय ढोल ताश्याचे पथक, तशेंच रोमटामेळानी , बायलांच्या दिंडी गटांनी शिगम्याची मिरवणुकीत रंग भरलो.

शिगमो पळोवपाक गोंयसयत हेर राज्यातले लोक लेगीत, व्हडा आकड्यान हजेरी लायताता, गांवगिऱ्या वाठारापासुन शारात लेगीत, सध्या शिगमोत्सवाचो मुड पळोवपाक मेळटा, अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणले.

-----------------------------------

**Bihar Day**

गोंयांत राबीतो करपी बिहार वासियांनी गोंयची संस्कृताय आपणावची, गोंय एकचारान रावपी राज्य, ताका लागुन बिहारी मनशांनी गोयांत रावतना, खंयच्याच गुन्हयांनी घुसपुचे न्ही, अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. बिहार राज्याच्या स्थापना दिसाची कार्यावळ पणजे इन्स्टीट्युट मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरात जाली. जे बिहारवासिय गोंयात रावतात तांची गोंय ही कर्मभुमी, तांणी गोंय नितळ आनी पाचवे-चार दवरचे अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

ह्या कार्यावळीक केंद्रिय राज्य संरंक्षण मंत्री संजय सेठ हाजीर आशिल्ले. तांणी आपल्या उलोवपात गोंयांत राबीतो करपी बिहारवासियांक बिहार स्थापना दिसाची परबी दिली.

ह्या कार्यावळीक राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे, भाजप प्रदेसाध्यक्ष दामोदर नायक , बिहारी समाजाचे फुडारी प्रवीण चौधरी तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

ह्यावेळार गोयांत बरी कामगिरी केल्या बिहार वासियांचो मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी भौवमान केलो.

-----------------------------------

**Pernem Paraglaiding**

पेडण्या केरी दर्यादेगेर, रितसर परवानो घे नासतना पॅराग्लायडींग करपी महाराष्ट्रातल्या 8 जाणाचेर, तेरेखोल दर्यादेग सुरक्षा पुलिशेन कारवा केल्या. ह्यावेळार संबंधितांकडल्यान सामान जप्त केला. 17 जानेराक केरी दर्यादेगेवेल्या दोंगरा वयल्यान, पॅराग्लायडींग करतना, पुण्याच्या 2 नागरीकांक तशेंच पॅराग्लायडींग करपी पायलटाक मरण आयिल्ले. ते उपरांत रितसर परवानो घे नासतना, पॅराग्लायडींग करपी वेवसायकांचेर पर्यटन खात्यान कडक कारवाय करपाची शिटकावणी केल्ली. ते उपरांत जाल्ली पॅराग्लायडींआडची ही पयली कारवाय.

-----------------------------------

Sacorda Fee Waste

साकोर्डा पंचायतीन गांवातल्या पर्यटन थळांक भेट दिवपी पर्यटकांक कोयर शुल्क लागू करपाचो निर्णय घेतला. तांबडी सुर्ला तशेंच साकोर्डा ग्राम पंचायत वाठारातल्या आनीक कांय इतिहासीक दायज थळांक भेट दिवपी पर्यटकांक १ एप्रिल सावन हें कोयर शुल्क लागू जातलें. पंचायतीच्या कार्यक्षेत्रांतल्या पर्यटन वाठारांनी कोयराच्या वाडट्या खर्चाचेर उपाय म्हुण हो निर्णय घेतला अशी म्हायती पंचायत वांगड्यांनी दिल्या. सध्या पंचायत कोयर वेवस्थापनाचेर म्हयन्याक सुमार 6 लाख रुपया खर्च करता.

-----------------------------------

Bunker inspection

नाकेरी बेतुल हांगा गन-पावडर सांठोवपी बंकरांत स्फोट जाल्ल्या सुवातेर, पेट्रोलियम आनी सुरक्षीतताय संघटनेच्या, म्हळ्यारच पेसो ह्या यंत्रणेच्या तज्ञाकडल्यान तपासणी जाली. ह्यावेळार जिल्हा प्रशासनाचे अधिकारी आणि आपत्कालीन विभागाचे अधिकारी हाजीर आशिल्ले. हे संबंदीचे तपासणेचो अहवाल, अधिकारी बेगीनूच जिल्लो प्रशासना कडेन सादर करतले.

हे विशीं दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी, एग्ना क्लिटस हांकां विचारलें, तेन्ना पुराय प्रकरणाची चवकशी करपा खातीर पेसोचो मुंबयच्यान पंगड अायला, अशें तांणी

सांगलें. ह्या पंगडान केल्ल्या चवकशेच्या अहवालाची आमी वाट पळयतात. सुरक्षेचो उपाय म्हणून वाठारांत लायिल्लो कर्फ्यू चालू दवरला, अशें तांणी सांगलें.

बिरेस्तारा रातच्या 10:30 वरांचे सुमाराक ही दुर्घटना जाल्ली. सुमार साडे-चवदा टन गनपावडर आशिल्ल्या बंकरांत उजो लागलो आनी मोटो स्फोट जाल्लो. ह्या अपघातांत बंकर पुरायपणान नश्ट जाल्ल्यान स कोटी रुपयांचें लुकसाण जाल्लें. सुदैवान कसलीच मनीसहानी जावंक ना.

-----------------------------------

Maye Mandap

मये मतदार संघातल्या हळदणवाडी मयेत जिल्हो पंचायत फंडाच्या अंतर्गत श्री लयराई जात्रा धोंडांच्या व्रताखातीर, मंडप उभारपाचो बुनियादी फातर बसयलो . या सुवाळ्याक मुखेल सोयरें म्हुण मये मतदार संघाचे आमदार श्री प्रेमेंद्र शेट हजर आसले. हे वरवी गोंयची एक फामाद जात्रा आसलेली लयराई जात्रच्या धोणांची, बरी व्यवस्था जातली अशे मत आमदार प्रेमेंद्र शेट हाणीं उक्तायलें.

-----------------------------------

Tiatr Program

गोंय तीयात्र अकादमी आनि रवींद्र भवन साखळी यांच्या जोडपालवान फाल्यां 23 मार्चक साखळेच्या रविंद्र भवनात कोकणी गीतांची कार्यावळ जातली. ही कार्यावळ, सांजे पाच वराचेर रवींद्र भवनाच्या मुखेल सभागृहात जातली. कार्यावळींत कोकणी गीतां नामनेचे गायक सादर करतले. संगीत रसिकांनी वडा संखेन हजर रावचे, अशे आवाहन आयोजकांनी केला.

-----------------------------------